**सर्गेस्त दयानंद बांदोडकर हांची जयंती**

ता. 7 मार्च 2024

गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त श्री. दयानंद बांदोडकर हांची जयंती मंगळार ता. 12 मार्च 2024 दिसा पाळपात येतली. सकाळी 10.00 वरांचेर मिरामार हांगा जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हेर मानेस्तां वांगडा सर्गेस्त दयानंद बांदोडकरांच्या समाधीचेर पुष्पांजली ओपतले. त्याउपरांत मुख्यमंत्री आनी हेर मानेस्त सकाळी 10.15 वरांचेर पणजेच्या पोरण्या सचिवालयाकडल्या आनी सकाळी 10.30 वरांचेर पर्वरीच्या नव्या सचिवालय प्रकल्पातल्या सर्गेस्त श्री. दयानंद बांदोडकर हांच्या पुतळ्यांक फुलांहार घालून आर्गां ओपतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/163

---

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.